Date: 1 April 2026

- गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज जनगणना 2027 सा खातीर स्वताची नोंदणी पुराय केली.
- राष्ट्रीय म्हामार्ग 66 रुंद करपाक कळाव जाल्ल्यान राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तनावाडे हांणी हुस्को उक्तायला.
- गोंयच्या आदीवासी समाजातल्या जोडप्यांक वंध्यत्व्याचेर उपचार करपाक मजत करपी गोंयच्या मातृत्व येवजणेक स्कोच रौप्य पुरस्कार फावो जाला.
- राज्यातल्या 6 नगरपालिकांचो कार्यकाळ सोपील्ल्यान सरकारान 6 पालीकांचेर प्रशासकाची नेमणूक केल्या.

**1) जनगणना 2027 - 177**

गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज जनगणना 2027 सा खातीर स्वताची नोंदणी पुराय करून एक आदर्श दवरला. दरेक जनगणना म्हत्वाची आनी दरेक आवाज गोंयचो आनी राष्ट्राचो फुडार घडयता. अचूक आनी व्यापक डेटाबेस तयार करपाच्या देशभरांतल्या मोहिमेत राज्य सामील जाल्ल्यान मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी स्वताची जनगणना सादर केली.

जनगणना ही फकत सांख्यिक न्हय, तर प्रभावी नियोजन आनी समावेशक शासनाची बुन्याद आसा अशें तांणी सांगलें. मुळावी बांदावळ, भलायकी, शिक्षण आनी कल्याण ह्या सारक्या वाठारांनी अचूक म्हायती निर्णय घेवपाक मदत करता अशें तांणी नदरेक हाडून दिलें. ही नोंदणी सुविधा 1 एप्रील ते 15 एप्रील मेरेन उक्ती आसा.
ह्या प्रक्रियेंत ओटीपी व्हेरिफिकेशन जाल्या उपरांत पसंत केल्ली भास निवडप, थळाचो तपशील भरप आनी नकाशांत राबितो चिन्न करप हांचो आस्पाव जाता. उपरांत वापरप्यांक पुराय जनगणना प्रस्नमाची भरची पडटा, तपशीलांचो नियाळ घेवचो पडटा आनी एक खाशेलो स्वताची नोंदणी आयडी तयार करपा खातीर अर्ज सादर करचो पडटा.

ही स्वताची नोंदणी आयडी तयार दवरून भेटी वेळार गणकाच्या मुखार सादर करपाचो सल्लो अधिकाऱ्यांनी दिला. ऑनलायन प्रक्रिया पुराय करूंक शकनाशिल्ल्यांक 16

एप्रील ते 15 मे ह्या काळांत आपल्या घरा भेट दिवपी गणकांकडल्यान मदत घेवंक मेळटली.

**2) राष्ट्रीय म्हामार्ग 66- 137**

राष्ट्रीय म्हामार्ग 66 रुंद करपाक कळाव जाल्ल्यान राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तनावाडे हांणी हुस्को उक्तायला. संसदेंतल्या शून्य प्रहरा वेळार तनावाडे हांणी सांगलें की, मुंबय-गोंय म्हामार्ग हो कोंकण प्रदेश आनी गोंया खातीर एक म्हत्वाची जिवीत रेखा, पर्यटन, वेपार आनी येरादारी हांकां आदार दिता. एक दशका आदीं मान्य केल्ल्या ह्या चार लेनिंग प्रकल्पाचो हेतू प्रवाशांचें आनी पर्यटकांखातीर कनेक्टिव्हीटी सुदारप, रस्त्याची सुरक्षीतताय वाडोवप आनी प्रवास वेळ उणो करप असो आशिल्ल्याचें तांणी नदरेक हाडलें.

पूण जमनी संपादनाचे प्रस्न, पर्यावरणीय मंजुरी, डिझायनांत बदल आनी कंत्राटदार संबंदीत प्रस्नांक लागून प्रकल्पाक सतत कळाव जायत आसा अशें खासदारांनी उक्तायलें. कितलेशेच टप्पे अपूर्ण आशिल्ल्यान येरादारीची गर्दी आनी रस्त्यांखातीर दुख्खाची स्थिती निर्माण जाता. पावसाच्या दिसांनी परिस्थिती इबाडटा, जाका लागून येरादारीचो जाम जाता आनी अपघातांचो धोको वाडटा अशी शिटकावणी तांणी दिल्या. तनवाडे हांणी सरकाराक कामाक गती दिवची आनी तें पुराय करपा खातीर स्पश्ट मुजत थारावचो असो उलो मारला.

**3) मंत्री तवडकार- 91**

गोंयच्या आदीवासी समाजातल्या जोडप्यांक  वंध्यत्व्याचेर उपचार करपाक मजत करपी गोंयच्या मातृत्व येवजणेक स्कोच रौप्य पुरस्कार फावो जाला.  ह्या येवजणेचो गोंयच्या आधीवासी समाजातल्या 350 वयर जोडप्यांक फायदो जाला, 60 बायलांनी 72 भुरगीं जल्माक हाडल्यात, तातूंत तिगून आनी 10 जुळ्यांचो आस्पाव आसा. (Byte)

आदिवासी कल्याण मंत्री  रमेश तवडकार हांणी पर्वरे मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेंद ही म्हायती दील्या. गोंय सरकारान ही येवजण 2012 वर्सा चालीक लायील्ली.जाल्यार ह्या येवजणेवरवी भुरगे नाशिल्ल्या जोडप्याक भुरगे जावपाखातीर

IUI आनी  IVF तशेंच हेर उपचाराखातीर 5 लाख रूपया मेरेन उपचार प्रमाण अर्थिक मजत सरकार दीता अशी म्हायती मंत्री तवडकार हांणी दील्या. (Byte)

**4) दाबोळी आंतरराष्ट्रीय विमानतळ- 94**

दक्षिण गोयांतल्या दाबोळी आंतरराष्ट्रीय विमानतळान संवसारीक मळार आपली उत्कृश्टताय सिध्द केल्या; विमानतळक सेवा दर्ज्या खातीर म्हणल्यारूच airport sevice quality ( ASQ) पुरस्कार फावो जाला.

जाल्यार  प्रतिश्ठीत विमानतळं काउन्सिल इंटरनॅशनल (एसीआय) पुरस्कारांत दाबोळी विमानतळान भारतीय विमानतळ प्राधिकरणाच्या (एएआय) खाला सगळ्या विमानतळां मदीं दुसरो क्रमांक मेळयलो. ते भायर संवसारीक क्रमवारींत 59वे सुवातेर मेळोवन आंतरराश्ट्रीय पांवड्यार दाबोळी विमानतळान स्वता खातीर एक वेगळी वळख स्थापन केल्या.

ही प्रतिश्ठीत क्रमवारी पुरायपणान विमानतळ सेवा उपलब्धताय, कर्मचाऱ्यांची शिष्टताय, नितळसाण, आनी एकंदर प्रवाशांचो अणभव अशे वेगवेगळे निकश लक्षांत घेवन प्रत्यक्ष प्रवाशांच्या प्रतिसादाचेर आदारीत आसा. विमान उद्देगा भितर हो पुरस्कार खूब मानाचो मानतात.

**5) पालिका प्रशासक- 54**

राज्यातल्या 6 नगरपालिकांचो कार्यकाळ सोपील्ल्यान सरकारान 6 पालीकांचेर प्रशासकाची नेमणूक केल्या. प्रशासक नियुक्तीचो आदेश जारी जाला. पेडणे, दिवचल, वाळपय, काणकोण, कुंकळ्ळी आनी कुडचडे - काकोडा ह्या 6 नगरपालीकांचो कारभार आता प्रशासक पळयतले. फोंडा आनी साखळे सोडून राज्यातल्या 11 नगरपालिकांच्यो वेंचणुको मे महिन्यात जातल्यो. प्रभाग फेररचणूक तशेच हेर प्रक्रिया राज्य वेंचणूक आयोगा कडल्यान सूरू आसा.

**6) पंचायत- 102**

केंद्र सरकारान गोंयच्या ग्रामीण प्रशासना खातीर व्हड प्रमाणांत अर्थीक मजत जाहीर केल्या, 2025-26 वितीय वर्सा खातीर 15व्या अर्थ आयोगाच्या अनुदानांतल्यान 18.27 कोटी रुपया दिले वतले.

पंचायत राज मंत्रालय आनी जल शक्ति मंत्रालयान मान्य केल्लो हो निधी खासा करून राज्यभरांतल्या गरजेच्या मुळाव्या साधनसुविधांची वाड करपा खातीर आनी सशर्त अनुदान दिवपा खातीर आसा. ह्या निधीचो दोनूय जिल्लो पंचायतीं आनी गोंयच्या 187 पात्र ग्रामपंचायतींक फायदो जातलो, जाका लागून थळाव्या प्रशासकांक म्हत्वाच्यो नागरी गरजो भागोवपा खातीर भरपूर साधनसुविधा मेळटल्यो.

हें सशर्त अनुदान फकत नितळसाण सेवा सुदारपा खातीर, उक्त्यार शौच मुक्त स्थिती सांबाळपा खातीर आनी घरगुती कयर वेवस्थापन करपा खातीर राखून दवरलां. ते भायर पिवपाच्या उदकाची पुरवण, पावसाचे उदक एकठांय करप, उदकाचो परत वापर करपाच्या उपक्रमांक सयत मुखेल उदका सुरक्षा प्रकल्पांकय हो निधी आदार दितलो.

**7) भीक मागपाचें प्रमाण- 85**

केंद्रीय समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान जाहीर केल्ल्या ताज्या आंकड्यां प्रमाण बाकी राज्यांकडेन तुळा केल्यार भुरग्यांचे भीक मागपाचें प्रमाण गोंयांत सगळ्यांत उणें आसा. राज्यांत फकत 24 अल्पवयीन भुरगीं भिक मागता अशे दिसून आयलां.

राष्ट्रीय पांवड्यार 2023 वर्साच्या निमाण्या काळांत सुरू केल्ल्या समर्पीत केंद्रीय पुनर्वसन उप येवजणे खाला आतां मेरेन 2,653 भुरग्यांक येसस्वीपणान सोडयल्यात आनी समाजांत एकठांय केल्यात. ह्या यत्नांक लागून 1,507 अल्पवयीन भुरग्यांक तांच्या कुटुंबां वांगडा एकठांय हाडलां आनी हेर शेंकड्यांनी भुरग्यांक तांच्या दीर्घकाळांतल्या बऱ्यापणा खातीर शाळांनी नांव नोंद केलां वा आंगणवाडी केंद्रां कडेन जोडलां.

**8) तापमान-75**

महसूल विभागाचे आयुक्त-सह-सचिव,संदीप जॅक्स हांणी वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा घेतील्या बसकेंत वाडत आशिल्ल्या तापमानाच्या फाटभुंयेर उश्णताय ल्हारां खातीर तशेंच येवपी पावसाच्या हंगामा खातीर राज्याच्या तयारीचो नियाळ घेतलो आनी उश्णताये संबंदीत धोक्यांतल्यान भौसाक राखण दिवपा खातीर सक्रिय आनी समन्वयात्मक उपायांचेर खासा भर दिलो.

उश्णताय ल्हारांचो परिणाम उणो करपा खातीर वेळार आनी समन्वयात्मक उपाय करपाची तात्काळ गरज आसा हाचेर जॅक्स हांणी भर दिलो आनी चड उश्णताय परिस्थितींत सुरक्षीत रावपा खातीर लोकांक गरजेचे खबरदारीचे उपाय आपणावपाक सांगलें.

**9) हवामान- 16**

हवामानखात्यात नोंद केल्याप्रमाण आयज राज्यान चडानचड तापमान ३५.२, जल्यार उण्यात उणे तापमान २५.६ असल्याचे नोंद जालां.

**10) खळ- 27**

खेळ-आयपीएल क्रिकेटांत आयज लखनौच्या अटल बिहारी वाजपेयी एकना क्रिकेट स्टेडियमांत लखनौ सुपर जायंट आनी दिल्ली कॅपिटल्स हांचे मदीं पांचवी मॅच जातली. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.